प्रादेशिक खबरो 17.10.2025 @ 7.25 am

Ganesh 40

मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हे बिरेस्तारा सरकारी कामा खातीर दिल्लीत गेले. सांजे वेळार तांणी नवे उपराष्ट्रपती डॉ. सी. पी. राधाकृष्णन हांची भेट घेतली. शेतकी मंत्री आनी फोंडेचे आमदार रवी नायक संवसाराक अंतरले. मंत्रीमंडळात एक सुवात खाली जाला. हे फांटभुयेर मुखेलमंत्र्यांची दिल्ली भेट म्हत्वाची थारता.

.Dip 30

स्व. मंत्री रवी नाईक यांच्या यादीक १९ ऑक्टोबर क सकाळी १०:३० क कला अकादमीच्या सभागृहात शोकसभेचे आयोजन केला. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत यांनी रवी नाईक यांच्या सगळया हितचिंतकांक या सभेक उपस्थित राहण्याचे आवाहन केला

Ganesh 90

म्हादय वाठार वाग संवर्दन वाठार जाहीर करपा खातीर सर्वोच्च न्यायालयाची उच्चाधिकार समिती गोंयांत पावली ही समिती वाग वाठार जाहीर करपाविशी सर्वोच्च न्यायालयात अहवाल सादर करतली. राष्ट्रीय वाग संवर्धन प्राधिकरण (एन टी सी ए) च्या शिफारसी प्रमाण म्हादय आनी आडेकुशीकचो प्रदेश ‘वाग वाठार’म्हणून जाहीर जाल्यार ताचे कसले परिणाम जातले? हे विशींच्यो समस्या, सुचवण्यो आनी हरकती तज्ज्ञां मुखार पांच मतदारसंघांतल्या लोकप्रतिनिधी/ ग्रामस्थांच्यो समस्या तज्ज्ञ समितीण आयकल्यो. समितीचे वांगडी चंद्रप्रकाश गोयल आनी सुनिल लिमये हो अहवाल सादर करतले.

सुशांत 50

15 sept ते 9 octo ह्या कालावधीत  दक्षिण गोंय पुलिसांनी घुवळी वखदां आड हातात घेतिल्ल्या मोहिमेत वट्ट १३ प्रकरणां गुन्याव म्हणून नोंद केल्यात तशेच दक्षिण गोंयांत वेगवेगळ्या सुवातींनी शेणिल्ले एकूण ६७ मोबायल फोन पुलिसांनी सोदून काडल्यात. हे फोन रोखडेच तांच्या मालकांक दितले अशें. दक्षिण गोंयचे पुलीस अधिक्षक टिकम सिंग वर्मा हांणी म्हायती दिली.

DIP 80

गोंय पुलीस खात्यावतीन ता. 21 ऑक्टोबराक पुलीस स्मृती दीस पाळतले. पणजे पुलीस मुख्यालयाच्या मैदानाचेर  सकाळी  8.00 वरांचेर कार्यक्रम जातलो. ह्या  दिसा राष्ट्र आनी नागरीकांची सेवा करतना आपल्या जीवाची आहुती दिल्या पुलीस कर्मचाऱ्यांच्या उगडासाक आर्गां ओपतले.

गोंय पुलीस लेगीत गोंयच्या लोकांची निस्वार्थपणान सेवा करतात आनी अशी सेवा करतना तांणी आपलो जीव ओपिल्लो आसा. पुलीस स्मृती दिसा हेड कॉन्स्टेबल सर्गेस्त बलराम बी. शिंदे, पुलीस उपनिरीक्षक सर्गेस्त अभिषेक शेर-अली परवेज गोम्स, पुलीस कॉन्स्टेबल सर्गेस्त शैलेश के. गांवकर आनी  पुलीस कॉन्स्टेबल सर्गेस्त विश्वास बी. देयकर हांच्या उगडासाक आर्गां ओपतले.

GST 40

सरकारान सुरू केल्यो  वस्तू आणि सेवा कर सुधारणाक लागून  २२ सप्टेंबर सावन गिरायकांच्या दिसपट्यां वापराच्या वेगवेगळ्या वस्तूं वेलो कर दर कमी जाले. या सुधारणांचो फायदो विमो गाडी घेवपाक आणि हेर कामाक कसो जाता ते विशी सांगतात धवलीचे अमेय देसाय byte

35

आकाशवाणी पणजी केंद्र कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा वाचका खातीर अर्ज मागयता. पदवी धर कोकणी भाशेचे पुराय गिन्यान तशेच भाषांतर करपाचेर प्रभुत्व आसप गरजेचे. अर्ज पावपाची निमणी तारीख 20 **oct**  आसा. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडे संपर्क साधचो.

**NSD** 45

युवा वेव्हार आनी खेळां मंत्रालयान विकसित भारत यंग लीडर्स डायलॉग क्विझ २०२६ ची निमाणी तारीख या महिन्याच्या 31 तारखे मेरेन वाडयल्या. 20 लाखां परस चड तरणाट्यांनी माय  भारत पोर्टला वरवीं क्विझांत पयलींच वांटो घेतला अशें मंत्रालयान सांगलें. देशांतल्या तरणाट्यां कडल्यान मेळिल्लो सकारात्मक प्रतिसाद मतींत घेवन ही निमाणी तारीख वाडयल्या

सुशांत 70

आदली नगराध्यक्ष सारा नायक देसाय हांणी आपल्या पदाचो राजिनामो दिल्ल्यान नवो नगराध्यक्ष वेंचून काडपाखातीर बसका काणकोण आपयिल्ली. काणकोण पालिकेचे नगराध्यक्ष म्हूण लक्ष्मण धर्मू पागी हे बिनविरोध वेंचून आयिल्ल्याचे काणकोणचे उपजिल्होधिकारी प्रताप नायक गावकार हांणी जाहीर केले.

Dip 50

एसकेएफ गोवा रिव्हर मॅरेथॉनची १५ वी आवृत्ती 14 डिसेंबराक चिकाली पंचायत मैदानाचेर जातली. वास्को स्पोर्ट्स क्लबान आयोजीत केल्ल्या ह्या सर्तींत भारत आनी परदेशांतल्यान सुमार 7500  धावपटू वांटो घेवपाची शक्यताय आसा. अंदूंचो विशय "पेस फॉर पीस" हो आसा . ह्या मॅरेथॉन सर्तींत पांच श्रेणी आसात  आनी वट्ट 8 लाख रुपया इनामां आसा.

30

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान ३४.५ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान २५. डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी गडगड आणि विजे सयत हल्को ते मध्यम  प्रमाणात पावस पडू येता .